प्रादेशिक खबरो १३.०४.२०२६ @ ७.20 pm

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू  हांणी बैसाखीआनी विशू सणानिमतान  पर्बी भेटयल्या

बार्देझ, दिवचल, पेडणे, सत्तरी, आनी तिसवाडी तालुक्यांनी आशिल्ल्या मामलेतदार कार्यालयांनी 'म्युटेशन डिस्पोजल अँड फेसिलिटेशन कॅम्प' १८ आनी १९ एप्रीलाकआयोजीत केला.

मळा हान्गाच्या तळ्यांत मेल्ल्या नुस्त्या विशीं हुस्को वाडत आशिल्ल्याच्या फाटभूयेर पणजी म्हापालीकेन हो प्रस्न बेगोबेग सुटावो करपाचो थारायला अशे म्हापौर  रोहित मोनसेरात हाणी सांगला

waves' आंतरराष्ट्रीय लघुपट महोत्सवाची तिसरी आवृत्ती 7 मे ते 10 मे मेरेन गोंयांत जावपाची आसा.

गोंयचे राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी बैसाखी सणानिमतान गोंयच्या लोकांक आनी देश आनी विदेशांत खास करून शीख समाजाक आणि हो खुशालकायेचो उत्सव मनोवपी सगळ्यांक उर्बेभरीत परबीं आनी शुभकामना भेटयल्या. बैसाखी सणान लुंवणीचो हंगाम सुरू जाता आनी हो सण शीख समाजा खातीर खुशालकाय, उपकार आनी नव्या सुरवातीचो उत्सव आसा. ह्या सणाक व्हड इतिहासीक म्हत्व आसा, खालसा पंथ स्थापणूकेचो हो उत्सव, जो धाडस, एकजूट आनी निसुवार्थ सेवा भावनेचे प्रतिक जावन आसा.हो शुभ दीस आमकां परिश्रम, लवचीकताय आनी आमचो आशिर्वाद एकामेकाक दिवपाच्या म्हत्वाचो उगडास करून दिता. ह्या सणाचो सलोखो आनी एकवटाचो संदेश भावपण आनी परस्पर आदराचे नाते घट करपाक आमकां सतत प्रेरणा दिता.  हो सण सगळ्यांच्या जीणेत  खुशालकाय, समृध्दी आनी बरी भलायकी घेवन येव आनी शांतीकाय, प्रगती आनी आस्पावीत उदरगती खातीर आमची एकवटीत जापसालदारकी आनीक मजबूत जांव अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

**तशेच** राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू हांणी विशू सणानिमतान गोंयच्या लोकांक आनी खास करून केरळच्या समुदायाक संवसारभरांतल्या हेर केरळयीन समाजाक परबीं भेटयल्या.

विशू सण समृध्दी, अपेक्षा आनी नव्या सुरवातीचो उत्सव आसा. विशू सणाची पवित्र परंपरा आमकां सकारात्मकता, उपकार आनी बरी सुरवात फुडल्या फलदायी वर्सा खातीर वाट करून दिता ह्या भावार्थाचो उगडास करून दिता. हो सण भक्तीभावान आनी उमेदीन मनयतात, आमचे सांस्कृतीक दायज घटमुट करता आनी एकवट, सलोखो आनी आपलेपणाच्या मुल्यांक उर्बा दिता. हांव सगळ्यां लोकांक आमच्या समृद्ध परंपरेचो उत्सव मनयतना प्रगतीशील आनी आस्पावीत समाज निर्माण करपा खातीर आपली कटीबद्दता वाडोवपाचो उलो मारता. हो शुभ उत्सव प्रत्येकाच्या जीणेत खुशालकाय, भरभराट आनी नवी सुरवात घेवन येव आनी सगळ्यांमदी एकजूट आनी सांस्कृतीक सलोख्याचे नाते मजबूत जाव अशें राज्यपालान संदेशात म्हणला.

राज्यातल्या नागरीकांच्या सोयी खातीर राज्यांतल्या बार्देझ, दिवचल, पेडणे, सत्तरी, आनी तिसवाडी तालुक्यांनी आशिल्ल्या मामलेतदार कार्यालयांनी 'म्युटेशन डिस्पोजल अँड फेसिलिटेशन कॅम्प' आयोजीत केला.हें शिबिर १८ आनी १९ एप्रीलाक, सकाळीं १०:०० ते सांजे ५:३० मेरेन जावपाचें आसा. ह्या उपक्रमा संबंदीं उत्तर गोंय जिल्होधिकारी अंकित यादव हांणी आदेश जारी केला. उत्परिवर्तना संबंदीत प्रकरणां प्रलंबीत आशिल्ल्या नागरिकांक आपापल्या मामलेतदार कार्यालयांत हाजीर रावपाचे निर्देश ह्या आदेशांत दिल्यात.अर्जदारान आपले अर्जाचे तपशील, आदार दस्तावेज, वळख पुरावो, शुल्क फारीकणी पावती (चलन), आनी मेळिल्ली खंयचीय पावती स्लिप, लागू आसल्यार, आपल्या वांगडा हाडपाक जाय अशें आदेशांत मुखार म्हणला

अन्न आनी वखदां प्रशासनान आयज नेसाय हांगाच्या एका आस्थापनाचेर धाड घालून भुरग्यां खातीर खावपाच्यो सुमार 2 लाख रुपया मोलाच्यो मुजत सोपलेल्यो Expired

चॉकलेटी आनी हेर वस्तू जप्त केल्या. एफडीएचे अधिकारी संज्योत कुडाळकार हांच्या फुडारपणाखाला ही कारवाय केली. दुकानांत मेळिल्ल्यो कांय वस्तू खावपा योग्य ना आनी ह्यो वस्तू खाल्यार भलायकेक त्रास जावंक शकतात अशें असें दिसून आयिले देखून अन्न सुरक्षेच्या नेमांक पाळो दिवंक नाशिल्ल्यान आस्थापनाक 30 हजार रुपया दंड केला अशी म्हायती कुडाळकार हांणी दिली. फुडाराकय अशी कारवाय चालूच उरतली अशें तांणी सांगलें.

पणजी मळा हान्गाच्या तळ्यांत मेल्ल्या नुस्त्या विशीं हुस्को वाडत आशिल्ल्याच्या फाटभूयेर पणजी म्हापालीकेन हो प्रस्न बेगोबेग सुटावो करपाचो थारायला.हे वीशी म्हायती दीतनी पणजी म्हापालीकेचे म्हापौर रोहित मोनसेरात हाणी सिवरेज उदकाक लागून तळ्यात प्रदुशण जावपाचें कारण आसु येता अशें म्हणला. सांत इनेज क्रीकांतय अशीच समस्या दिसून आयिल्ल्यान अधिकार् यांनी विश्लेशणा खातीर उदकाचे नमुने एकठांय केल्यात. ह्या प्रस्नाचेर उपाय काडपा खातीर 15 एप्रीलाक बहुविभागीय बसका जावपाची आसा अशी म्हायती मेयर रोहित मोन्सेरात हांणी दिली.

सूक्ष्म, ल्हान आनी मध्यम उद्देग मंत्रालयान ‘राष्ट्रीय एमएसएमई पुरस्कार ’ खातीर ऑनलायन अर्ज करपाची प्रक्रिया परतून सुरू केल्या. उद्देगांतल्या उद्देजकांच्या उत्कृश्ट वावराक मान्यताय दिवप आनी नवनिर्माण, उत्कृश्टताय आनी वाडीक प्रोत्साहन दिवप हो पुरस्कारांचो मुखेल हेत आसा.

ह्या पुरस्कारा खातीर वेगवेगळ्या विभागांनी अर्ज मागयल्यात. तातूंत तंत्रीक नदरेन कार्यक्षम उत्पादन उद्देजक, सेवा क्षेत्रांतले उद्देजक, निर्यात प्रधान सेवा उद्देग, बायलां उद्देजकता, अनुसुचीत जाती/ जमाती उद्देजक, दिव्यांग उद्देजक आनी ईशान्य भारतांतले उद्देजक हांचो आस्पाव जाता.

waves' आंतरराष्ट्रीय लघुपट महोत्सवाची तिसरी आवृत्ती गोंयांत जावपाची आसा. ह्या महोत्सवांत संवसारभरांतल्यान 632 नोंदी मेळ्ळयात.  हो महोत्सव 7 मे ते 10 मे मेरेन गोंय मन रिजवणसंस्था  (ईएसजी) हांगा जावपाचो आसा. 'waves संवसारभरांतल्या फिल्म निर्मात्यांक, कलाकारांक आनी प्रेक्षकांक एकठांय हाडून नवनिर्माण, कथा कथन  आनी सिनेमांतल्या उत्कृश्टतायेचो  महोत्सव म्हण मनयतले अशे महोत्सवाचे संचालक अमोल आजगांवकार हांणी सांगलें.

ह्या महोत्सवात खाशेले आकर्षण  म्हळ्यार 60 हावर्स चेलेंज जांवन आसा. अंदु ह्या विभागाचे पाचवे  वर्स, ह्या सर्तीत 42 गट वाटो घेतले. शोर्ट फील्म तयार कराची ही सर्त आसा.  पोरु देहरादुन हांगा वेव्स महोत्सवाचे आयोजन केल्ले. जाल्यार आता अंदु गोयात  वेवज महोत्सवाच्य तिसऱ्या आवृत्तीचे आयोजन केला.

फर्मागुडी फोंडा हांगाच्या पीईएस महाविद्यालयान राज्यातल्या  उच्च माध्यमीक विद्यार्थ्यां खातीर 'वैजकी सूक्ष्मजीवशास्त्र' ह्या विशयाचेर गिमाळी शाळा शिबिर घडोवन हाडल्या. गोवा राज्य संशोधन मंडळ' GSRF च्या अर्थीक पालवान ही कार्यावळ जातली. विद्यार्थ्यांक वैजकी सूक्ष्मजीवशास्त्रांत मुळावें गिन्यान आनी हाताळणी प्रयोगशाळेचो अणभव दिवप हो ह्या उपक्रमाचो मुखेल हेत आसा. भलायकी जतनाय आनी रोग आडावपाच्या मळार सूक्ष्मजीवशास्त्राक सगळ्यांत चड म्हत्व आसा आनी ह्या माध्यमांतल्यान विद्यार्थ्यांक ह्या मळार करिअर संद मेळटली. ह्या कार्यावळी खातीर नोंदणी शुल्क घेवचे नात.गोंय राज्यांतल्या उच्च माध्यमीक शाळांचे विद्यार्थी ह्या कार्यशाळेखातीर पात्र आसात. दरेक उच्च माध्यमीक शाळेंतल्यान फकत 5 विद्यार्थी वांटो घेवंक शकतात. आसनां मर्यादीत आशिल्ल्यान 'पयलीं येवपी पयली' तत्वाचेर निवड जातली.नोंदणीची निमाणी तारीख 25 एप्रिल  आसा. उच्च माध्यमिक विद्यार्थ्यांनी हे संधीचो लाव  घेवचो अशें आवाहन प्राचार्य विवेक पिसुरलेकर हांणी केलां.

संसदेंत तशेंच विधानसभेंत बायलांक फावो त्या प्रमाणांत प्रतिनिधित्व मेळपा खातीर नारी शक्ती वंदन अधिनियम विधेयक संमत जावपाची गरज आसा. देशाच्या लोकशायेच्या वाटचालीतलो हो एक म्हत्वाचो पावंडो आसा. बायलांक प्रतिनिधित्व दिवपा खातीर 2023 वर्सा नारी शक्ती वंदन अधिनियम विधेयकाचो मसुदो तयार जालो. हे विशी असोचम गोंय राज्य बायलां सशक्तीकरण समितीची अध्यक्ष, सीए भक्ति डेम्पो हांणी 'नारी शक्ति वंदना कायदो' बेगोबेग चालीक लावपाचो खर गरज उक्ताय्ल्या; तशेंच, समावेशक प्रशासनाच्या दृष्टीन हो एक ईतिहासिक सुधारणात्मक निर्णय अशे ताणी म्हणला.

भगवान बिरसा मुंडा लक्ष सिध्दी येवजणे खाला जेईई आनी नीट परिक्षेंत वांटो घेवपा खातीर अनुसुचीत जमातीच्या विद्यार्थ्यांक मेळपी अर्थीक मजती विशीं म्हायती दिवपाक आदिवासी कल्याण संचालनालयान आयज रवींद्र भवन, मडगाव हांगा जागृताय शिबिर घडोवन हाडलें. ह्या शिबिराचें उक्तावण आदिवासी कल्याण मंत्री रमेश तवडकार हांणी केलें.

ह्यावेळार कुशावती जिल्ह्यातल्या सुमार २०० विद्यार्थी आणि १०० पालकांक मंत्री तवडकार हांणी हे येवजणेची म्हायती दिली. एसटी समाजांतल्या विद्यार्थ्यांनी हे येवजणेचो लाव घेवपाची गरज तांणी उक्तायली. विद्यार्थ्यांक सहजतायेन हे येवजणेचो लाव घेवंक मेळचो म्हणून येवजणेत सुदारणा केल्यात अशें तांणी सांगलें. ह्या वेळार आचार्य अकादेमीचे संस्थापक ज्ञानेश्वर मुटकुले हांणी अशा परिक्षेची तयारी कशी करपाची गरज आसा हाचेर विद्यार्थ्यांक मार्गदर्शन केलें. आदिवासी कल्याण खात्याचे संचालक निलेश धायगोडकार हांणी ह्या मेळाव्याक येवकार दिलो जाल्यार गोंय राज्य अनुसूचित जाती अर्थ आनी उदरगत म्हामंडळाचे अध्यक्ष प्रीतिदास गांवकार हांणी उपकार मानले.

दोनापावला हान्गाच्या हवाई दर्या देगेर आयोजित १३ ते १७ एप्रिल मजगती सेल गोवा विभागीय सेलिंग सरत जातली. गोवा योटीन्ग संघटने वतीन गोय खेळा प्राधिकरणाच्या सहकार्यान सर्त रंगतली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 33.9 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला तर किमान 25.2 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.